REGIONAL NEWS 29.01.2026 @ 7.25 AM

Rashmi

तुयां हॉस्पिटलांत 50 नर्सी सयत 97 कर्मचाऱ्यांची नेमणूक करपाक मान्यताय दीला. 2 february क तुयेच्या नव्या हाॅस्पीटलाचे उक्तवण जातले तशेंच सल्लागारांचीय नेमणूक जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंत्रीमंडळाच्या बसके उपरांत दीली. बंदर कप्तान खात्यांत उप बंदर कप्तान पद भरपाक मंत्रीमंडळाच्या बसकेत मान्यताय दील्या हे शिवाय गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयात वेगवेगळी पदा कंत्राटी पद्धतीचेर भरपाचो निर्णय जाला.

rashmi

फुडल्या सप्तका सावन गोंयवैजकीय म्हाविद्यालयाच्या हाॅस्पिटलात मेडिसीन, सर्जरी, स्किन, ईएनटी आनी आर्थोपेडिक्स ओपीडींत उपचार घेवपाखातीर ऑनलायन ओपीडी अपॉइंटमेंट बुकींग सुरू जातली. ह्या उपक्रमाक लागून लांब रांक खूब उणी जातली, वाट पळोवपाचो वेळ उणो जातलो आनी दुयेंतींक तांच्या हॉस्पिटल भेटीची बरी येवजण करपाक मदत जातली अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्या संकेतस्थळाचेर वचुन दुयेतीन नावाची नोंदणी आॅनलाय केल्या उपरांत ह्या ओपीडीच्या सेवेचो लाव दुयेतीक मेळटलो.

गणेश

लोकांचो विरोध आनी भावनांचो विचार करून युनिटी मॉल आनी प्रशासन स्तंभ हे दोनुय प्रकल्प चिंबल सावन दुसऱ्या थळाचेर स्थलांतरीत करपाचो निर्णय सरकारान घेतला. हे विशीचे पत्रक पर्यटन खात्यान जारी केला. प्रस्तावित युनिटी मॉल प्रकल्प हो तोयार तळ्याच्या प्रभाव वाठारात ना. सरकारचे म्हणणे योग्य आशिल्ले अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी म्हणला.

Rashmi/ganesh

कर्मचारी भरती आयोगामार्फत नव्यान निवड जाल्या 21 एकाऊंटंटांक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी नेमणूक पत्रांचे वांटप जाले. हे वेळार मुखेल सचीव

डॉ. कांदवेलू आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले. सरकारी शिरवीस ही नागरीकांक बरी सेवा दीवपाखातीर आसता,ताका लागुन सरकारी शिरवीशेक लागलो म्हण गर्वान वागचे न्ही अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. नव्यान नेमणुको जाल्या एकाऊंटंटांनी अधिकारी म्हणू वागपा परस सेवेकरी अशे तरेन वागचे, अशें आवाहन नव्यान भरती जाल्ले एकाऊंटंटांक नेमणूक पत्रां दिवचे वेळार उलयताना तांणी हे आवाहन केले.

sushant 90

सध्या बेतूल हांगा चालू आशिल्ल्या इंडिया एनर्जी विक सप्तका खातीर गोंयांत आयिल्ले युएईचे उच्चायुक्त अब्दुल्ला हुसेन सलमान मोहम्मद अल मरझूकी हांचे कडे  गोंयचे उद्देग मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी संवाद सादलो.द्विपक्षीय अर्थीक संबंद घटमूट करप, उद्देगीक सहकार्याक चालना दिवप आनी परस्पर वाड आनी सामायिक केल्ल्या संदीचेर आदारीत गोंय आनी युएई हांचे मदीं भागीदारी खातीर फुडाराचे मार्ग सोदून काडप हाचेर ह्या संवादांत चर्चा जाली. गोंय सरकार, उद्देग आनी आंतरराष्ट्रीय भागीदार हांचे मदीं अर्थपूर्ण संवाद वाडोवपाक आनी संवसारीक वेवसाय आनी सहकार्या खातीर गोंय एक आकर्शक केंद्र म्हूण स्थापन करपाक अशा बसकांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें गुदिन्हो हांणी ह्यावेळार सांगलें.

Rashmi

इंडिया ट्रॅव्हल मार्ट (आयटीएम) गोवाचे उक्तावण काल जाले. उत्तराखंड आनी पंजाबच्या राज्य पर्यटन पर्यटन मंडळां, प्रवास वेपार, प्रवास एजंट, पर्यटन आयोजक, हॉटेलकार, मुखेल संघटनेचे अधिकारी ह्यावेळार हाजीर आशील्ले.

पवार

महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री अजित पवार हांका काल सकाळी महाराष्ट्रातल्या बारामती हांगा जाल्या विमान अपघातात मरण आयले. नागरी उड्डाण मंत्रालयान माहिती दिली की, व्हीएसआर वरवी चलपी लिअरजेट ४५ (व्हीटी-एसएसके) विमानाचे काल

सकाळी बारामती विमानतळार क्रॅश लँडिंग झाले. मंत्रालयाने अशेय सांगला की, महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री, आनीक दोन कर्मचारी आणि दोन क्रू मेंबर्स सयत विमानात पाच कर्मचारी आशिल्ले. अधिकाऱ्यांनी सांगले की, या अपघातात कोनुच वाचले ना. महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री अजित पवार हांचे निमणे संस्कार आज पुणे जिल्हयातल्या बारामतीत सकाळी ११ क विद्या प्रतिष्ठान मैदानार  पूराय राजकीय सन्मानान जातलो. महाराष्ट्राचे राज्यपाल आचार्य देवव्रत, मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस आणि उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे यांनी बारामतीक भेट दिली आणि महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री अजित पवार हांका श्रद्धांजली ओपली. त्यांनी अजित पवारांची घरकान सुनेत्रा पवार आणि चुलत भयण सुप्रिया सुळेचीय भेट घेतली. या दुःखद घटने उपरांत राज्य सरकारान ३ दिसांचो राजकीय दुखवटो जाहीर केला.

स्पोर्ट्स 20

गोवा शुटिंग बॉल असोसिएशनान आयोजीत केल्ले 25 वे राज्य शुटिंग बॉल वस्तादपण सर्तीत तोरशेंच्या शहीद रामसिंग मेमोरियल सरकारी हायस्कूलाच्या चल्यांचो पंगड वस्ताद थारलो जाल्यार चल्यांचो पंगड उपजैतिवंत थारलो.

weather 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान 31.7 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 21.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.